# राष्ट्रीय एकता दीस पाळ्ळो

ता. 31 ऑक्टोबर 2018
9 कार्तिक 1940

भारताचे लोहपूरूश सर्गेस्त सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती निमतान राष्ट्रीय एकता दीस आनी भारताच्यो आदल्यो प्रधानमंत्री सर्गेस्त इंदिरा गांधी हांच्या पुण्यतिथी निमतान राष्ट्रीय संकल्प दीस आयज सचिवालयात पाळ्ळो. हया वेळार मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांणी सचिवालयातल्या कर्मचा-यांक एकात्मता आनी राष्ट्रीय एकता दीसाचो सोपूत दिलो.

सुरवेक मुख्य सचिव आनी हेर मानेस्तांनी दोनीय फुडा-यांच्या फोटवाक फुलांहार घातले. कार्यक्रमाक सचिव, विशेश सचिव, अतिरिक्त/जोड सचिव, अवर सचिव आनी सचिवालयातले कर्मचारी हजर आशिल्ले. राष्ट्रगीतान कार्यक्रमाचो समारोप जालो.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1623